राष्ट्रापती  द्रौपदी मुर्मू ह्या म्हयन्याचे 22 तारखेक 72वे राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार भेटयतल्यो ही कार्यावळ गुजरातांतल्या एकता नगरांत जातली. माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाने म्हटला की, या वरसाचे पुरस्कार विविध भाषा, शैली आणि चित्रपट प्रकारांतल्या  विविधतेचो  गौरव करतात. , 'आर्टिकल ३७०' क सर्वोत्कृष्ट चित्रपट म्हुण सन्मानित करतले.  'भंगार' ह्या चित्रपटाक सर्वोत्कृष्ट नॉन-फीचर फिल्म आनी  'राम-नामी' क  सर्वोत्कृष्ट माहितीपट म्हुण निवड केल्या. 'ब्रह्मयुगम' चित्रपटाखातीर अभिनेते ममूटी आणि 'चंदू चम्पियन'खातीर  कार्तिक आर्यन हानची सर्वोत्कृष्ट अभिनेता  पुरस्कारा खातीर  निवड जाल्या. तर यामी गौतम हाका  'आर्टिकल ३७०' खातीर सर्वोत्कृष्ट अभिनेत्री (मुख्य भूमिका) म्हुण  सन्मानित करतले.. हे पुरस्कार मराठी, संथाली, तमिळ, मल्याळम, तेलगू, कन्नड, तुळू आणि गढवाली यांसारख्या वेगवेगळ्या  भाषा आणि प्रकारांतल्या  चित्रपटां दितात  . नमूद केले की, पयलेच फावट  राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कारांच्या नॉन-फीचर फिल्म विभागात एका संथाली चित्रपटाक  सन्मानित करतात अश्ये मंत्रालयान म्हटला .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी  ,उदरगत तळागाळा मेरेन  पावपाची खात्री करतना समाजसेवा आनी नितळसाण ही एक यत्नविरयत दिसपट्टी संवय करची असो उलो नागरिकांक आनी भौशीक प्रतिनिधींक मारला. नवसारीं  गुजरात हागा  नव्यान बांदिल्ल्या, भाजपा कार्यालयाच्या उक्तावण उपरांत व्हड भौशीक रझीक प्रधानमंत्री संबोधीत करताले.पीएम स्वनिधी येवजणेच्या परिवर्तनकारी परिणामाचेर भर दितना पीएम ताणी सांगलें, हे येवजणे वरवीं परवडपी पतपुरवण आनी आधुनीक डिजिटल फारीकणी सुविधांचो सोपो प्रवेश सुनिश्चीत करून, ल्हान रस्त्यार विक्रेत्यांक आनी पांयतणां विक्रेत्यांक अर्थीक आस्पाव केला.

प्रधानमंत्री  नरेंद्र मोदी आनी  रशियाचे अध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन ब्रिक्स शिखर परिषदेच्या निमित्तान द्विपक्षीय भासाभास करतले. नवी दिल्लीत एका आभासी पत्रकार परिषदेत उलयताना  क्रेमलिनचे म्हणयारे  दिमित्री पेस्कोव्ह हाणी सांगला. , ब्रिक्स शिखर परिषदेदरम्यान भारता वांग्डच्या  चर्चेक  प्राधान्य दितले , अश्येय तानी मुखार म्हटला.

द्विपक्षीय संरक्षण आणि सागरी सहकार्य अधिक घटमूठ  करपाच्या हेतान संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आयज श्रीलंकेच्या तीन दिसाचा भेटी खातीर   कोलंबो दाखल झाले. बंदरनायके आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचेर  श्रीलंकेच्या उप संरक्षण मंत्री अरुणा जयसेकरा आणि श्रीलंकेतलो भारतीय उच्चायुक्त संतोष झा हाणी तांका  योवकर दिलो.

अन्न आनी भौशीक वितरण खातें (डीएफपीडी) आनी भारतीय अन्न म्हामंडळ (एफसीआय) हांणी नवी दिल्लींत 2026-27 वित्तीय वर्सा खातीर कबालात केल्या.  हि काबलात  एक व्यापक कामगिरी चौकट स्थापन करता, जातूंत कार्यकारी कार्यक्षमताय सुदारप, जापसालदारकी घटमूट करप आनी अन्नधान्य वेवस्थापनांत आधुनिकीकरणाक गती दिवप हो हेत आसा.साठोवपाचें लुकसाण उणें करप, साठवण क्षमतायचो इश्टतम वापर, रसद आनी पुरवण साखळी वेवस्थापनांत सुदारणा, गुणवत्ता नियंत्रण यंत्रणा घटमूट करप ह्या सारक्या मुखेल वाठारांनी ह्या कबलातींत लक्ष केंद्रीत केलां अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां.

आयज आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दीस. व्यक्ती, समाज आनी समाजा खातीर साक्षरतेचें म्हत्व सगळ्यांक याद करून दिवपा खातीर दर वर्सा सप्टेंबराच्या ८ तारखेक हो दीस मनयतात. अंदू आंतरराष्ट्रीय साक्षरता दिसाचो विशय “लोक, संसार  आनी समृध्दी” खातीर साक्षरता. १९६६ वर्सा युनेस्कोन आपल्या सादारण परिशदेच्या चवदाव्या अधिवेशनांत जाहीर केल्लो आंतरराश्ट्रीय साक्षरता दीस प्रगतीचो नियाळ घेवपाची संद दिता, खर आनी उदयाक येवपी आव्हानांची खोलायेन समजूत वाडोवपाची संद दिता आनी नेटान बदलपी संवसारांतल्या फुडल्या साक्षरतायेच्या अजेंडेंक आकार दिता.

अहमदाबाद हागा  सुरू आशील्या जागतिक तिरंदाजी पश्चा सिरीज सर्तीच्या च्या तिसऱ्या पावद्यार  भारतान उत्कृष्ट कामगिरी केल्या . आयज  भारतान दादल्यांच्या सांघिक प्रकारात दोन भंगारा पदका आनी  महिलांच्या रिकर्व्ह प्रकारात एक रुप्या पदक जोडला.

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिस  भारताच्या ईशान्य वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज बिहार, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, ओडिशा आनी अस्तंत बंगालांतय अशीच हवामानाची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, अंडमान आनी निकोबार जुंवे, बिहार, ओडिशा, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी तेलंगणा हांगा फुडल्या दोन दिसांत जोगला आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा.तशेंच आयज केरळ आनी माहेचेर उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायल्या.